**Panaji regional news**

**25 April 2025,, 7.20pm**

**मुखेलमंत्री**

गोंयात सध्या 3 पाकिस्तानी नागरिक अल्प काळाच्या व्हिसाचेर आसात जाल्यार 17 पाकिस्तानी नागरिक दीर्घकालीन व्हीसाचेर आसा. 3 पाकिस्त नागरिकांक 27 एप्रिलमेरेन देश सोडचो पडटलो, अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी सांगले.

केंद्रीय गृह मंत्रालयाच्या आदेशा उपरांत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी मंत्रालयात उचेल्या पावंड्याचेर सुरक्षेविशी बसका घेतली. पहलगाम हल्ल्याच्या फाटभूयेर राज्यात खर सुरक्षा उपायांची कार्यवाय जातली, अशे मुखेलमंत्र्यांनी स्पष्ट केले.

मडगांव : पहलगामच्या आतंकवादी हल्ल्याचो आयज मडगांवां गोवा मुस्लीम फोरम या संघटनेन निशेद केलो. आतंकवाद्यांक कसलोच धर्म लागना. खर बंदोबस्त आसतना हो हल्लो कसो जालो, हाची चवकशी जावपाची गरज आसा. इस्लाम धर्म कोणाचोच जीव घेवपाक शिकयना. जीव वाटावपाक शिकयता. काश्मिरी मुस्लिमांनी पर्यटकांक मजत करीत तें दाखोवन दिलें, अशें समाजीक कार्यकर्ते अझीम शेख हांणी ह्यावेळार उलयताना सांगलें.

दक्षीण गोंय जिल्लोधिकारी कार्यालया लागसार गोवा मुस्लीम फोरम हे संघटणे वतीन पहलगामच्या दहशतवादी हल्ल्याचो निशेद केलो. ह्या वेळार अझीम शेख हांणी सांगलें, पहलगाम पर्यटना खातीर गेल्ल्या पर्यटकांचेर दहशतवादी हल्लो केलो. थंय मरण आयिल्ल्यांक आर्गां ओंपून ह्या हल्ल्याचो आमी निशेध करतात. आतंकाक धर्म नासता. खरो मुसलमान केन्नाच आतंकवादी जावपाक शकना. मुसलमान सगल्यांक वांगडा घेवन मुखार सरता. जांणी हल्लो केलो ते फकत नांवाचे मुसलमान आशिल्ले. इस्लाम कोणाकूच मारपाक शिकयना. जंय हो हल्लो जालो त्या भागांत जायत्या कश्मिरांतल्या लोकांनी जाय तितली मजत केल्या. काश्मिरांतल्या मुसलमानांनी जें मनीसपण दाखयलां तें इस्लाम धर्म शिकयता. हाका लागून ह्या विशयावेल्यान चुकीचो प्रचार करचो न्हय. हल्लो जालो थंय आतंकवादी शस्त्रांसयत कशे पावले हाली खोलायेन चवकशी जावपाक जाय अशी मागणी तांणी केली. ह्यावेळार अश्रफ पंडियाल हांचे उला◌ेवप जाले. भारताची एकता आनी अखंडता कायम उरचे खातीर सगल्यांनी एकवटीत प्रयत्न करपाचो उलो तांणी मारलो.

इतले मजगती काल सांजवेळा, अभाविप आनी भाजयुमो ह्या संघटनांनी मडगावच्या पालिकेमुखार उबे रावन ह्या हल्ल्याचो निशेद केलो. ह्या हल्ल्यात संवसाराक अंतरिल्ल्या पर्यटकांक आर्गां ओंपपाखातीर मेणवात मिरवणूक काडली. मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांणी ह्या मिरवणुकेत वांटो घेतलो.

**अमित शाहा**

पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याचे फाटभुयेर, भारतान पाकिस्तानी नागरिकांक दिल्ले व्हिसा रद्द केल्या उपरांत, आता केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी आयज सगळ्या मुख्यमंत्र्यांकडेन उलोवप करून, तांकां आप-आपल्या राज्यांतल्या सगळ्या पाकिस्तानी नागरिकांची, वळख करपाक सांगलें. तांका बेगोबेग पाकिस्तानांत परत धाडपाची खात्री करपा खातीर, पावलां उबारपाक, मंत्री शाहा हाणी मुखेलमंत्र्यांक सांगलां, अशें सूत्रांनी सांगलें

**विमानतळार**

गोंयच्या मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळार (एमआयए) आधारीत फ्लाय ९१ ही प्रादेशीक विमान सेवा सध्या सप्तकभरांत १०० परस चड उड्डाण करतात. येवपी गिमाळ्यांत हो आंकडो १५० मेरेन वाडोवपाची येवजण विमान सेवेन आखल्या, अशें फ्लाय ९१ चे वेवस्थापकीय संचालक आनी मुखेल कार्यकारी अधिकारी मनोज चको हांणी सांगलें.

फ्लाय ९१ न मार्च २०२५ वर्सा विमानसेवेचें एक वर्स पुराय केलां. ह्या काळांत ३,५०० परस चड उड्डाण करीत, सुमार १.७ लाख प्रवाशांनी फ्लाय ९१ चो प्रवास अनुभवलो. सेवा सुरू जाल्ल्याक कंपनीन दरेका सप्तकांत नेमान १०० उड्डाणांची येसस्वी अंमलबजावणी केल्या, वेळापत्रकूय पाळ्ळें. आतां गिमाळ्या प्रवासाचे वाडपी मागणे खातीर

१५०+ उड्डाणांची तयारीय केल्या.  फ्लाय ९१ चें तिसरें एटीआर ७२-६०० विमानाचो आतां अधिकृतपणान फ्लीटांत आसपाव जाला, जाल्यार चोवथें विमान रोखडेंच दाखल जातलें.

नव्या उपक्रमांच्या रूपान, फ्लाय ९१ न उड्डाणा मजगतीं गरम जेवण आनी कोल्डींक्सांची प्रीबुकिंग सेवा सुरू केलया. ही सेवा दिवपी मेजक्या प्रादेशीक एटीआर ऑपरेटर्स मदले एक

जावपाचो मान फ्लाय ९१ क मेळ्ळा, अशें फ्लाय ९१ चे वेवस्थापकीय संचालक आनी मुखेल कार्यकारी अधिकारी मनोज चको  हांणी सांगलें.

## उच्च शिक्षण प्रवेश

उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या खाला येवपी शासकीय आनी अनुदानीत महाविद्यालयांची पयलें वर्स ऑनलायन प्रवेश प्रक्रिया ११ एप्रील सावन सुरू जाल्या. अर्ज करपाची निमाणी तारीख ३० एप्रिलाक आसा.  आतां मेरेन समर्थ पोर्टलार णव हजार अर्ज मेळ्ळयात, अशी म्हायती उच्च शिक्षण संचालनालयाचे नोडल अधिकारी डॉ. महादेव गांवस हांणी दिली. ३० परस चड पद्वीपूर्व कार्यावळींचो आसपाव आशिल्ले हे प्रवेश प्रक्रियेंत राज्यांतल्या सुमार ४० महाविद्यालयांनी वांटो घेतला.  अर्ज करपाची निमाणी तारीख ३० एप्रिलाक आसा.

विद्यार्थ्यांनी चड म्हायती खातीर आनी तांचे अर्ज वेळार सादर करपाक उच्च शिक्षण संचालनालय गोंयच्या संकेतस्थळाक आनी समर्थ पोर्टलाक भेट दिवपाचो उलोय डॉ. गांवस हांणी मारलो.बीए.बीएड प्रवेश प्रक्रिया २५ एप्रील सावन सुरू जाल्या. ही प्रवेश प्रक्रिया ६ मे मेरेन समर्थ पोर्टलार चलतली. हे खातीर उमेदवारान गोवा विद्यापीठान घेतिल्ल्या जीयु-आर्ट २०२५ हे

परिक्षेंत मेळिल्ले गूण ऑनलायन अर्जांत नमूद करप गरजेचें. हे गुण नमूद करिना जाल्यार अर्ज प्रवेशा खातीर विचार करचे ना, अशी म्हायती डॉ. गांवस हांणी दिली.

**मडगांव: शेतकी खात्यान**

गोंयच्या शेतकी खात्यान 2024-25 ह्या वर्सा दक्षिण गोंयांतल्या 37 हजार 685 शेतकारांक 24 कोटी २६ लाख रुपयांचे अनुदान वांटला अशी म्हायती शेतकी खात्यान दिल्या. वेगवेगळ्या येवजणांखाला हें अनुदान दिला अशी म्हायती सुत्रांनी दिली.

फाटल्या वर्सा 663 शेतकारांक यंत्रां खरेदी करपाक 93 लाख ५१ हजार रुपया, शिंपणावळ आनी बागायती खातीर 1 हजार 92 शेतकारांक 2 काेटी 02 लाख रुपया, शेतकारांक मुळावी मजत म्हूण 1 कोटी 87 लाख रुपया, बियाणे खरेदी करपाक 5 हजार 629 शेतकारांक 51 लाख

47 हजार रुपया जाल्यार वंयो बांदपा खातीर 153 शेतकारांक 35 लाख 50 हजार रुपयांची मजत दिल्या अशी म्हायती दक्षिण गोंयचे शेतकी अधिकारी राजेश प्रभूदेसाय हांणी दिली. ह्याशिवाय 6 हजार 101 बागायतदारांक  नाल्ल, तांदूळ आनी काजू उत्पादनांचेर आधारभूत मोल दिला अशें प्रभूदेसाय हांणी सांगलें.

2014 वर्सा सावन दक्षिण गोंय जिल्लो शेतकी खातें साश्टी, केपे, सांगे, धारबांदोडा, काणकोण, मुरगांव आनी फोंडा तालुक्यांतल्या शेतकारांच्या अनुदानाच्या प्रस्तावांचेर ह्या कार्यालयांत निर्णय घेता. उपरांत विभागीय कार्यालयांवतीन शेतकारांमेरेन ही मजत पावयता. फाटल्या वर्सा सेंद्रीय शेती येवजणे खाला 799 शेतकारांक 65 लाख 77 हजार रुपया जाल्यार भौशीक शेती करपी स गटांक 35 लाख 50 हजार रुपया अनुदान म्हूण दिला अशें तांणी सांगलें.

मडगांवां गोवा मुस्लीम फोरमावतीन आतंकवादी हल्ल्याचो निशेध

**शारदा ग्रंथ प्रसारक**

फोंडेच्या शारदा ग्रंथ प्रसारक संस्थेचो ओंदूचो साहित्य पुरस्कार प्रदान सुवाळो आयतारा २७ एप्रिलाक जातलो. थ्रिफ्ट सोसायटी सभाघर, फोंडा हांगा सकाळी साडेणवांक सुरू जावपी ह्या सुवाळ्याक ज्येष्ठ

गोमंतकीय साहित्यिक प्रा. डॉ. अरूण हेबळेकर मुखेल सोयरे म्हूण हाजिर रावतले. ह्या वर्साचो कै.माधवी देसाई स्मृती शारदा साहित्य सन्मान पुरस्कार अंजली आमोणकर, पणजी हांका फावो जाला. हेर शारदा साहित्य पुरस्कारांचे मानकरी अशे आसात.डॉ. विभा लाड, काणकोण (कादंबरी), मुग्धा शेखर बोरकर, फोंडा (ललित), कविता बोरकर, मडगाव (काव्य), डॉ. रेवा दुभाषी, फोंडा (संकीर्ण), प्रतिभा कारंजकर, फोंडा (प्रवासवर्णन), डॉ. विद्या प्रभूदेसाई, फोंडा (संशोधनपर साहित्य), डॉ. तरुजा भोसले व नंदिनी माजिक, पर्वरी (कथा), चित्रा क्षीरसागर, पणजी व डॉ. नीता तोरणे, मेरशी (संपादित साहित्य), सुरेश भट गझल प्रेरणा पुरस्कार सचिन मणेरीकर, फोंडा बा. भ. बोरकर काव्य प्रेरणा पुरस्कार तृप्ती बांदेकर, डिचोली हांचो हांतुत आसपाव आसा अशी म्हायतीफोंडेच्या शारदा ग्रंथ प्रसारक संस्थेचो जाळवणादारांनी दिल्या.